19 May 2026 6.30PM

PM Modi (78)

भारत-नॉर्वे ह्या दोन देशांमदीं तिसरी शिखर परिशद सुरू आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे वांगडा नॉर्वे, स्वीडन, आयसलँड, डेन्मार्क आनी फिनलँडचे प्रधानमंत्री ओस्लो सिटी हॉलांत जावपी शिखर सभेंत वांटो घेतात. ऑक्टोबर 2025 सावन वेपार आनी अर्थीक भागीदारी करार म्हटल्यावर टेपा लागू जाल्ल्यान ह्या शिखर सभेंत वेपार आनी गुंतवणूक हांचे खोल संबंद स्थापन करपाचो यत्न जातलो, हे संबंधान उलयताना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें

Stray Dogs (82)

मनशाच्या जिविताची आनी भौशीक सुरक्षेची राखण करपाक सर्वोच्च न्यायालयान पयलेच खेपे कुपोशण, मरण येवपी वा धोकादायक आशिल्ल्या भटक्या सुण्यांक इत्सामरण दिवपाक मान्यताय दिल्या. न्यायाधीश विक्रम नाथ, न्यायमूर्ती संदीप मेहता आनी न्यायमूर्ती एन. एन. व्ही. अंजारीया हांचो समावेश आशिल्ल्या ह्या खंडपीठान देशभरांत वाडत आशिल्ल्या भटक्या सुण्यांच्या आकड्याचेर आळाबंदा हाडपाच्या हेतान जायते निर्देश जारी केल्यात.

ज्या वाठारांनी भटक्या सुण्यांचो आंकडो भिरांकूळ पांवड्यार पावला आनी सुण्यांनी हल्लो केल्यान भौशीक सुरक्षेक धोको निर्माण जाला अशा वाठारांनी नगरपालिका म्हामंडळां ह्या निर्देशाचो आदार घेवंक शकता अशें खंडपिठान सांगलां.

Rajnath Singh (62)

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज दक्षिण कोरियांतल्या सेऊल शारांत तीन दिसांचे अधिकृत भेटीर गेल्यात. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत केंद्रीय मंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें.....

भारत आनी दक्षिण कोरिया ह्या देशांमदी संरक्षण सहकार्य आनी रणनिती भागीदारी आनीक घटमूट करप हो हे भेटीचो हेत आसा.

Amit Shah- 65

पयली सीएपीएफ, डीआरजीचे जवान आनी छत्तीसगढ पुलीस वाठाराची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करताले. पूण आतां बस्तर नक्सल मुक्त जाल्ल्यान 200 शिबिरांतल्यान सुमार 70 शिबिरांचो 'वीर शहीद गुंडादूर सेवा डेरा' अशें रुपांतर करपाचे थारायल्याची म्हायती केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी दिल्या. हें रूपांतर करून बस्तारांतल्या दरेका आदिवासी भाव-भयणीक सरकारी सुविधा दिवप हो मुखेल हेत आशिल्याचें घरमंत्र्यांनी सांगलां.

India- Bangladesh- 51

भारत हो बांगलादेशाचो दुसरो व्हडलो वेपारी भागीदार जाला आनी अमेरिकेक कांयश्या अंतरान फाटीं सोडलां. बांगलादेश सांख्यिकी ब्युरोच्या ताज्या आंकड्यां प्रमाण फेब्रुवारींत बांगलादेशाच्या वट्ट वेपारांत भारताचो वाटो 8.47 टक्के आसून ताचें मोल 123.28 अब्ज टाका आशिल्लें. अमेरिकेच्या 8.46 टक्के वांट्या परस हें आकडे मात्शे चड आसा, जाचें मोल 123.17 अब्ज टाका आशिल्लें.

Announcement (84)

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी आल्तिन्हो पणजी, हांगा सादर करचो. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

Weather (55)

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसां खातीर राजधानी खातीर उश्णताय ल्हारांचो यलो अलर्ट जारी केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण शाराच्या कांय वाठारांनी  खर उश्णताय येवपाची शक्यताय आसा.

इतलें मजगती, बिहार, कर्नाटक, उत्तर प्रदेश, केरळ आनी तमिळनाडू, माहे, लक्षद्वीप, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, उपहिमालय अस्तंत बंगाल, सिक्किम, पुडुचेरी, अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा.

Sports- (22)

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आयज राजस्थान रॉयल्स आनी लखनौ सुपर जायंटस ह्या पंगडांमदी खेळ जातलो. हो खेळ जयपूरांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर खेळटलें.